06.07.2026

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन इंडोनेशिया, ऑस्ट्रेलिया आनी न्यूझीलंड ह्या देशांच्या स दिसांच्या दौऱ्यार आसतले * गृहमंत्री अमित शाहा हानी आयज dr स्यामा प्रसाद मूकर्जीक, हांका ताच्या 125व्या जयन्ति दिसा आर्गा ओपली ओपली

* आसाम विधानसभेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन आयज गुवाहाटीच्या दिसपुरांत सुरू जाता.

* केंद्रीय सहकार मंत्री अमित शाह आयज नवी दिल्लींत सहकार मंत्रालयाच्या पांचव्या स्थापन दिसा सुवाळ्याक हाजीर रावपाचे आसा.

pm

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन इंडोनेशिया, ऑस्ट्रेलिया आनी न्यूझीलंड ह्या देशांच्या स दिसांच्या दौऱ्यार आसतले . 3 राश्ट्रांच्या दौऱ्याच्या पयल्या पांवड्यार प्रधानमंत्री आयज सांजवेळा दोन दिसांच्या भेटीचेर इंडोनेशियाक पावतले. मे 2018 वर्सा भारत-इंडोनेशियाचे संबंद व्यापक रणनिती भागीदारीच्या पांवड्यार व्हरल्या उपरांत ही प्रधानमंत्री मोदीची ही चवथी भेट आसतली. प्रबोवो सुबियांतो आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी संरक्षण सहकार्य, वेपार आनी गुंतवणूक, अन्न आनी उर्जा सुरक्षा, आनी सांस्कृतीक सहकार्याचेर लक्ष केंद्रीत करून व्यापक रणनिती भागीदारी घटमूट करपा विशीं चर्चा करपाची अपेक्षा आसा. जकार्ताच्या खाशेली गजाल म्हळ्यार प्रधानमंत्री मोदीचें भारतीय समुदायच्या लोकांक मार्गदर्शन आसतलें. बाली, मेदान, सेमारंग, सुरबाया, आनी जकार्ताचो पुराय समाज सांस्कृतीक सादरीकरणां सयत भव्य येवकार दिवपाक सज्ज आसा . हजारांनी भारतीय नागरिक आनी भारतीय मूळचे लोक जमतले , ही भेट ही एक अभिमानाची गजाल आनी मातृभूमी कडेन आपलो संबंद घट करपाची संद अशें वर्णन केलां. 8 जुलयाक प्रधानमंत्री मोदी इतिहासीक प्रंबनन देवळाक भेट दितले . युनेस्कोच्या संवसारीक दायजाच्या ह्या थळाच्या पुनर्स्थापनेच्या यत्नांक भारत आदार दिता, ताका लागून दोनूय राश्ट्रांमदल्या खोल संस्कृतायेच्या संबंदांचेर भर दिला. आपल्या भोंवडेच्या दुसऱ्या पांवड्यार प्रधानमंत्री ह्या म्हयन्याच्या 8 तारखेक 3 दिसांची भेट घेवन मेलबर्नाक पावतले, थंय ऑस्ट्रेलियन प्रधानमंत्री अँथनी आल्बानीसा वांगडा तिसऱ्या भारत-ऑस्ट्रेलिया वर्सुकी शिखर सभेंत वांटो घेतलो.

ह्या संवादांत द्विपक्षीय संबंदांतल्या उदयाक येवपी वाठारांचो आस्पाव जातलो, खास करून गंभीर खनिजां, सायबर सुरक्षा क्षेत्र, पुरवण साखळी लवचीकपण, उदयाक येवपी तंत्रगिन्यान आनी हेर विषयांचेर चर्चा जातली . तीन राष्ट्र भेटीच्या तिसऱ्या आनी निमाण्या पांवड्यार प्रधानमंत्री मोदी 10 ते 11 जुलय मेरेन न्यूझीलंडांत आसतले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी न्यूझीलंडचो समकक्ष क्रिस्टोफर लक्सन हांचे कडेन उलोवणी करतले. फाटल्या दोन वर्सांत खास करून वेपार आनी वाणिज्य आनी संरक्षण मळार म्हत्वाची प्रगती जाल्ल्या द्विपक्षीय संबंदाच्या पुराय वावराचो दोनूय फुडारी नियाळ घेतले.

Shivraj Singh Chouhan

विकसित भारत - रोजगर आनी अजीविका मिशनाची हमी (ग्रामीन), VB-G RAM G कायदो 2025, ह्या म्हयन्याच्या पयल्या दिसा येसस्वीपणान लागू जाल्ल्यान केंद्रीय ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहाना हाणी खोस उक्तायल्या. मंत्रीमंडळान व्हिडियो कॉन्फरन्सिंग माध्यमातल्यान मिशनाच्या अंतर्गत राज्यांक 25 हजार कोटी रुपयां वयर, पयल्या वाट्याचे वितरावप केलें. चौहान हांणी सगळ्या राज्यांच्या आनी केंद्रीय प्रदेशांच्या ग्रामीण उदरगत मंत्र्यां कडेन VB-G RAM G चालीक लावपाचो नियाळ घेतलो. राज्या कडेन फावो तो निधी आसून 15 दिसां भितर पगार दिवंक मेळटलो असो जाहीर केल्ल्या पयल्या हप्त्याचो हेत जावन आसा अशें तांणी सांगलें.

Assam

आसाम विधानसभेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन आयज गुवाहाटीच्या दिसपुरांत सुरू जाता. नव्यान स्थापन जाल्ल्या विधानसभेच्या पयल्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनांत 26 कॅलेंडर दिसांनी पातळिल्ले 16 कामाचे दीस आसतले. 2026-27 वर्साचें वर्सुकी अर्थीक विवरण 10 जुलयाक सादर करतले.अधिवेशनांत 16 ते 21 जुलय मेरेन रिसेस आसतलो आनी 31 जुलयाक सोंपपाचो आसा.

Shah

गृहमंत्री अमित शाहा हानी आयज dr स्यामा प्रसाद मूकर्जीक, हांका ताच्या 125व्या जयन्ति दिसा आर्गा ओपली .

सोशल मिडिया पोस्टांत  मंत्री शाहा हानी  सांगलें की , भारतीय जनसंघाचे संस्थापक आनी राष्ट्राच्या एकचार, प्रामाणीकपण, आनी सांस्कृतीक राष्ट्रवादाचे खर समर्थक dr मूकर्जी आसले . तांणी 'नेशन फर्स्ट' हो आदर्श आपल्या जिविताचें मार्गदर्शक तत्व केलें . बंगाल फाळणी वेळार ताणें केल्लें योगदान आनी जम्मू-काश्मीर भारताचो अभिन्न भाग म्हूण दवरपा खातीर ताणें केल्लो आजीवन संघर्श भारतीय इतिहासांत सदांच याद उरतलो. मंत्री शाहा हानी  तत्वां कडेन आशिल्ली आपली अखंड वचनबद्धताय आनी राष्ट्राच्या प्रामाणीकते खातीर केल्लो आजीवन लढो पिळग्यांनी तरणाट्यांक प्रेरणा दित

shah

केंद्रीय सहकार मंत्री अमित शाह आयज नवी दिल्लींत सहकार मंत्रालयाच्या पांचव्या स्थापन दिसा सुवाळ्याक हाजीर रावपाचे  आसा. मंत्रालयान सांगलें, सहकार से समृद्धीच्या दृश्टीकोना प्रमाण हो सुवाळो जातलो. ह्या निमतान  मंत्री शाह बुन्याद फातर घालतले  आनी जायत्या मुखेल उपक्रमांचें उक्तावण करतले . तातूंत 232 धान्य सांठोवपाच्या गोदामांचे उक्तावण, सहकार व्हानचे भूमि पूजन, उत्तर प्रदेश आनी महाराष्ट्रांतल्या ऊतक संवर्धन सुविधांचे भूमिपूजन, राष्ट्रीय सहकारी डेटाबेस सुरू करप आनी जिओ-टॅग मोबायल ॲप्लिकेशन, राष्ट्रीय दुग्ध उदरगत मंडळाचें (एनडीडीबी) दुदाची पुरवण पुनरावलोकन डॅशबोर्ड पोर्टल सुरू करप हांचो आस्पाव जाता. मजगतीं, सहकारी इनपुट आनी सेवा वितरण बहुराज्य लिमिटेड खाला  जनावरांच्या उत्पादकताये संबंदीत उपक्रम, सहकारी दुदाचो उत्पादक संघटना बहुराज्य लिमिटेडाचें उक्तावण, गोमाय सहकारी संस्था बहुराज्य लिमिटेडाचें उक्तावण, आनी राष्ट्रीय शार सहकारी वित्त आनी विकास म्हामंडळ (एनयूसीएफडीसी) च्या दोन मुखेल उपक्रमांचें अनावरण - सहकार सीबीएस आनी सहकार सहयोगीय जातली. ह्या कार्यावळी वेळार 50 हजार प्राथमीक शेतकी पतसंस्था (पीएसीएस) ई-पॅक्सांत रुपांतरीत जातली.

Assam

आसामाच्या गुवाहाटी शारांत आयज ब्रिक्साच्या घुंवली वखदा  विरोधी एजन्सींच्या मुखेल्याची बसका सुरू जातली. दोन दिसांची ही कार्यावळ गृह मंत्रालयाच्या खाला आशिल्ल्या घुंवली वखदां नियंत्रण ब्युरोन घडोवन हाडल्या. हे बसकेंत घुंवली वखदां  विरोधी एजन्सीचे मुखेली आनी ब्रिक्स वांगडी देशांतले वरिश्ठ अधिकारी एकठांय येवन घुंवली वखदां  वेव्हार  दुरुपयोग हांचे आड सहकार्य घटमूट करतले.

गुवाहाटींत जावपी ब्रिक्स घुंवली वखदां  विरोधी एजन्सी मुखेल बसकेंत कार्यकारी समन्वय घटमूट करप, क्षमता निर्माण करप आनी संस्थांनी सहकार्य वाडोवप हाचेर भर दितले. नवे मानसीक पदार्थ, डार्कनेट सक्षम केल्लो वेपार, क्रिप्टोकरंसी संबंदीत अर्थीक प्रवाह, आनी पूर्ववर्ती रसायनांचो गैरवापर अशा उदयाक येवपी आव्हानां विशीं प्रतिनिधी चर्चा करतले. तशेंच भारत घुंवली वखदांचो    दुरुपयोग आनी वेपाराक आडावपाचे यत्न दाखयतले, तातूंत हालींच जाहीर केल्ल्या मादक पदार्थ नियंत्रणाचेर व्हिजन डॉक्युमेंट 2026-2029 सयत. हे बसकेंत वांगडी देश घुंवली वखदां संबंदीत विकसीत जावपी धोक्यांक तोंड दिवपा खातीर आनी आंतरराष्ट्रीय सहकार घटमूट करपा खातीर रणनितीचेर विचार करतले.

Bavi

सुपर चक्रीवादळ बावी अमेरिकेच्या पॅसिफीक जुंव्यांचेर व्हड वाऱ्याच्या वादळान जमनीचेर पावला .अमेरिकेच्या राष्ट्रीय हवामान सेवान  शिटकावणी दिल्या की ह्या सामक्या धोक्याच्या वादळाक लागून विनाशकारी लुकसाण जावंक शकता आनी सुमार 11 मीटर उंचायेचेर ल्हारां येवपाची शक्यताय आसा. अस्तंत पॅसिफीक वाठारांत उश्ण कटिबंधीय चक्रीवादळां चड प्रमाणांत दिसतात. अमेरिकेच्या जुंव्यांचेर अशे तरेचे वादळ असामान्य आसले तरी हवामानांतल्या बदलाक लागून बळिश्ट चक्रीवादळ चड प्रमाणांत जातात अशें शास्त्रज्ञ म्हणटात.

भारतीय  हवामान खात्यान आयज गुजरात, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र आनी छत्तीसगडात उटानगराचो  पावस पडपाचो  अदमास उक्तायला आनी  रेड अलर्ट जारी केल्या.उदेंत राजस्थान, हिमाचल प्रदेश, कर्नाटक, केरळ, माहे, मध्य प्रदेश उत्तराखंडात अशीच परीस्तीठी असतली . हवामान खात्यान त्या दिसा आसाम, मेघालय, बिहार, उदेंत उत्तर प्रदेश, हरियाणा,चंडीगढ, दिल्ली आनी अस्तंत बंगाल हांचेर व्हड प्रमाणांत पावसाची परिस्थिती निर्माण जाल्या असो अदमास उक्तायला . दिल्लींत दिसा मध्यम पावस पडपाचो अदमास उक्तायला . हवामान खात्यान दिसाचें चडांत चड तापमान सुमार 32 ते 34 अंश आनी उण्यांत उणें तापमान सुमार 25 ते 27 अंश आसतलें असो अदमास उक्तायला

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन इंडोनेशिया, ऑस्ट्रेलिया आनी न्यूझीलंड ह्या देशांच्या स दिसांच्या दौऱ्यार आसतले * गृहमंत्री अमित शाहा हानी आयज dr स्यामा प्रसाद मूकर्जीक, हांका ताच्या 125व्या जयन्ति दिसा आर्गा ओपली

* आसाम विधानसभेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन आयज गुवाहाटीच्या दिसपुरांत सुरू जाता.

* केंद्रीय सहकार मंत्री अमित शाह आयज नवी दिल्लींत सहकार मंत्रालयाच्या पांचव्या स्थापन दिसा सुवाळ्याक हाजीर रावपाचे आसा.